12th Sept 2026 8.40am

मुखेल खबरो

- नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपमांत, आयज १८वी ब्रिक्स शिखर परिशद, सुरू जाता. ह्या २ दिसाच्या परिषदेत वेपार, गुंतवणूक आनी पुरवण साखळी अशा मुखेल प्रस्नांचेर, भासाभास जावंपाची आस्त आसा.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज, चीनाचे राष्ट्रपती शी जिनपिंग हांचे संयत, ब्रिक्स फुडार्‍यांकडेन द्विपक्षीय संवाद साधतले.
- सरकारान 'प्रधानमंत्री आवास येवजण-शहरी 2.0' खाला, 18 लाख परस चड घरांक मान्यताय दिल्या.
- उत्तर प्रदेशांतल्या २५ जिल्ह्यांनी हुंवाराची परिस्थिती इबाडल्या. राज्य सरकारान आदार आनी बचाव कार्य, नेटान सुरु केला.
- हॉकींत, चीनांत सुरू आशिल्ल्या, जूनियर आशिया कप उपांत्य फेरयेंत, आयज भारतीय बायलांचो पंगड, दक्षिण कोरिया आड झुजतलो.

ब्रिक्स

नवी दिल्लींतल्या 'भारत मंडपमांत आयज अठराव्या ब्रिक्स शिखर परिशद सुरू जाता. दोन दिसांच्या ह्या भव्य कार्यावळींत ब्राझील, चीन, इजिप्त, इथिओपिया, इंडोनेशिया, भारत, इराण, रशिया, साउदी अरेबिया, दक्षिण आफ्रिका, आनी संयुक्त अरब अमीरात (युएई) ह्या सारक्या इकरा मुखेल उदरगतशील आनी विकसीत अर्थवेवस्थेचे प्रतिनिधी एकठांय येतले. ह्या उचा पांवड्यावेल्या शिखर परिशदेंत ब्रिक्स वांगडी राश्ट्रांच्या फुडार्‍यांनी जागतीक शासन, बहुपक्षीयता, वेपार आनी गुंतवणूक, तंत्रगिन्यान, अन्न आनी उर्जा सुरक्षा, भलायकी जतनाय आनी पुरवण साखळी अशा मुखेल प्रस्नांचेर भासाभास करपाची आस्त आसा. भारताच्या 2026 वर्साच्या ब्रिक्स अध्यक्षपदा खाला ही शिखर परिशद घडोवन हाडल्या, जी 'लवचीकपण, नवनिर्माण, सहकार, आनी टिकावूपणाची बांदावळ' ह्या विशयाचेर केंद्रीत आसा. ह्या म्हत्वाच्या शिखर सभेंत संवसारांतले जायते नामनेचे फुडारी वांटो घेतले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ब्रिक्स फुडार्‍यां कडेन द्विपक्षीय चर्चा करतले.

पीएम काल मीट

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल नवी दिल्लींत, रशियेचे राष्ट्राध्यक्ष व्लादिमीर पुतीन, इराणी राष्ट्राध्यक्ष मसूद पेजे-शकियन आनी संयुक्त राष्ट्र संघटनेचे सरचिटणीस आंतोनियो गुटेरेस हांचे कडेन द्विपक्षीय बसका घेतली. राष्ट्राध्यक्ष व्लादिमीर पुतीन हांचे कडेन जाल्ले बसकेंत, दोनूय फुडार्‍यांनी राजकारण, वेपार आनी अर्थवेवस्था, संरक्षण, उर्जा आनी लोकां मदीं संबंद अशा विंगड विंगड वाठारांनी भारत-रशिया सहकार्यांतल्या प्रगतीचो नियाळ घेतलो. इराणी राष्ट्राध्यक्ष मसूद पेजे-शकियन हांचे कडेन जाल्ले बसकेंत, प्रधानमंत्री मोदी हांणी द्विपक्षीय संबंद आनी अस्तंत आशियांतल्या हालींच्या घडणुकां विशीं भासाभास केली. सगले प्रस्न, संवाद सोडोवपाक जाय, अशी भारताची भुमिका मोदी हांणी परतून सांगली.

BRICS

खोल सहकार्य आनी घटमूट भागीदारी वरवीं शाश्वततेक चालना दिवपाच्या गरजेबरोबरच, दरेका देशाच्या अर्थीक रणनितींत लवचीकताय केंद्रबिंदू जाल्या अशें विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस. जयशंकरान सांगलां. ब्रिकस फुडार्यांचें शिखर परिषदेच्या पयलीं काल नवी दिल्लींत जाल्ल्या ब्रिकस वेवसाय मंचात डॉ. जयशंकर उलयताले. ब्रिक्सखातीर हे वर्ष एक म्हत्वाचो वाटचिरो आसा, कारण हो गट संस्थात्मक सहकार्याची २० वर्सां पुराय करतात अशें तांणी म्हळें.

मंचाच्या उक्तावण सत्रांत उलयतना वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयलान ब्रिकस राष्ट्रांक आपल्या अर्थीक शक्तीचे रूपांतर आपल्या लोकां खातीर रोजगार, संपत्ती आनी समृद्धींत करपा खातीर एकठांय काम करपाचें आवाहन केलें.

BRICS FM

ब्रिक्स देशांचे अर्थमंत्री आनी केंद्रीय बँकेचे गव्हर्नर हांणी, टॅरिफ आनी बिगर-टॅरिफ अडथळ्यांसयत, एकतर्फी व्यापार आनी आर्थिक उपाय लागू करपाविशी  गंभीर हुस्को उक्तायला. ह्या उपायांक लागून व्यापाराचेर परिणाम जाता आनी ते संवसारीक वेपार संघटनेच्या (WTO) नेमांकडेन विसंगत आसात, अशें तांणी सांगलें. ब्रिक्स देशांनी WTOक केंद्रस्थानी दवरून उक्त्या, पारदर्शक आनी नेमांचेर आदारीत, बहुपक्षीय व्यापार वेवस्थेक परत एक फावट आपलो तेंको उक्तायलो. काल मुंबयंत भारताच्या ब्रिकस अध्यक्षते खाला जाल्ल्या ब्रिकस अर्थमंत्री आनी केंद्रीय बँकेचे गव्हर्नरांची निमणी बसका सोंपल्या उपरांत, जारी केल्ल्या संयुक्त निवेदनात, ह्या गटाचे वांगडी देशांनी ही म्हायती दिली.

PMAY-U

सरकारान 'प्रधानमंत्री आवास येवजण-शहरी (PMAY-U) 2.0' खाला 18 लाख 77 हजार घरांक मान्यताय दिल्या. ह्या निर्णयाक लागून येवजणेची अंमलबजावणीक गती मेळटली आनी शारी वाठारांनी 'सगल्यांक घरां' हो उद्देश साध्य करपाचे दिकेन उदरगत मुखार वतली. ब्रेस्तारा नवी दिल्लींत जाल्ले 'केंद्रीय मंजुरी आनी निरिक्षण समितीचें' धावे बसकेंत हो निर्णय घेतला. घरां आनी शारी वेव्हार मंत्रालयाखाला शार उदरगत विभागाचे सचीव सत्येंद्र सिंग हांणी हे बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळ्ळे.

Kisan Maandhan Yojana

प्रधानमंत्री किसान मानधन येवजणेची आयज सात वर्सां पुराय जाल्यांत. ल्हान शेतकारांक, समाजीक सुरक्षा दिवपाच्या हेतान 2019 वर्सा आयच्या दिसा, ही येवजण सुरू केल्ली. हे येवजणे खाला, पात्र आशिल्ल्या ल्हान आनी सीमांत शेतकारांक, पिरायेच्या 60 वर्सां सावन, उण्यांत उणी म्हयन्याळी तीन हजार रुपया, पेन्शनाची खात्री दिता.

WEATHER

भारतीय हवामान खात्यान आयज दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेशा खातीर 'ऑरेंज अलर्ट' जारी करून व्हड पावस आनी वादळी वारें व्हावपाची शिटकावणी दिल्या. हवामान खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण आयज उत्तराखंड, गुजरात, कोंकण, गोंय, मध्य प्रदेश, महाराष्ट्र, छत्तीसगढ हांगाय व्हड पावस पडपाची शक्यताय आसा. तशेच फाल्यां मेरेन तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, विदर्भा, बिहार, राजस्थान, आनी अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर वीज पडपा वांगडा गडगडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

UP FLOOD

मजगती, उत्तर प्रदेशांतली हुंवाराची परिस्थिती इबाडत आशिल्ल्यान, राज्य सरकारान बाधित कुटुंबांक मजत करपा खातीर, आदार आनी बचाव कार्य वाडयला. सध्या मोठो पावस आनी धरणांतल्यान उदक सोडिल्ल्यान, उण्यांत उणें 25 जिल्ह्यांचेर हुंवाराचो परिणाम जाल्या. राज्य मजत आयुक्त कार्यालयाच्या म्हणण्या प्रमाण, फकत ब्रेस्तरा, सुमार 8 हजार लोकांक सुरक्षीत सुवातेर व्हेले. तशेंच बाधित लोकांक सुरक्षीत सुवातेर आलाशिरो दितात. सध्या सुमार 3 हजार व्यक्ती रिलीफ कॅम्पांनी रावल्यात.

HOCKEY

हॉकींत सध्या चीनांतल्या मोकी शारांत सुरू आशिल्ल्या 'जूनियर आशिया कप'च्या पयल्या उपांत्य फेरयेंत भारतीय बायलांचो पंगड दक्षिण कोरिया आड झुजतलो. ही मॅच सकाळीं 9:45 वरांचेर सुरू जातली. उपांत्यपुर्व फेरयेंत पाकिस्तानाचेर 19-0 अशी मात करून भारतान उपांत्य फेरयेंत पावल घाले. तीन जैता आनी एका खेळांत बरोबरी करून भारतान 10 गूण मेळोवन 'एलिट पूल अ' सर्तींत पयलें स्थान मेळयलें. दुसरे उपांत्य फेरयेंत यजमान चीन जपाना आड खेळटलो. ही मॅच दनपारा 12 वरांचेर सुरू जातली. चीन आनी जपान हांणी उपांत्यपुर्व फेरयेंत अनुक्रमान कझाकस्तान (4-0) आनी बांगलादेश (2-0) हांकां हारोवन उपांत्य फेरयेंत सुवात मेळयली.

बायलां क्रिकेट

बायलां क्रिकेटांत, फाल्यां दुबयंत जावपी टी-20 आशिया कप सर्तींत, भारत श्रीलंके आड खेळतलों. काल रातीं श्रीलंकेन पाकिस्तानाक चार विकेटींनी हारोवन फायनलींत पावल घालें. 131 धांवड्यांच्या लक्ष्याचो फाटलाव करतना, श्रीलंकेन 18 पूज्य 4 ओव्हरींनी, 6 विकेटी वगडावन, 134 धांवड्यो काडल्यो.

परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपमांत, आयज १८वी ब्रिक्स शिखर परिशद, सुरू जाता. ह्या २ दिसाच्या परिषदेत वेपार, गुंतवणूक आनी पुरवण साखळी अशा मुखेल प्रस्नांचेर, भासाभास जावंपाची आस्त आसा.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज, चीनाचे राष्ट्रपती शी जिनपिंग हांचे संयत, ब्रिक्स फुडाऱ्यांकडेन द्विपक्षीय संवाद साधतले.

- सरकारान 'प्रधानमंत्री आवास येवजण-शहरी 2.0' खाला, 18 लाख परस चड घरांक मान्यताय दिल्या.

- उत्तर प्रदेशांतल्या २५ जिल्ह्यांनी हुंवाराची परिस्थिती इबाडल्या. राज्य सरकारान आदार आनी बचाव कार्य, नेटान सुरु केला.

- हॉकींत, चीनांत सुरू आशिल्ल्या, जूनियर आशिया कप उपांत्य फेरयेंत, आयज भारतीय बायलांचो पंगड, दक्षिण कोरिया आड झुजतलो.